## उपमुख्यमंत्र्याहस्तुकीं कोवीड झुजाऱ्यांचो भोवमान

ता. २५ जून   2021

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी आयज कोरोना संक्रमणाच्या काळांत आपल्या जिवाची पर्वा करीनासतना आनी सुशेंग घेनासतना सेवा दिल्ले कोरोना झुजारी दोतोर, नर्सी, हाऊसकिपिंग कर्मचारी आनी सुरक्षा रक्षकांचो भोवमान केलो.

हंसापूर पेडणे हांगा आयोजीत कार्यकमाक भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, भलायकी सेवा संचालक डॉ. डिसा, डॉ. बोरकर, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. मनोहर धारगळकर, श्रीमती सिमा खडपे, सरपंच श्री. संतोष मळीक , तुळशिदास गावस हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी कोवीड झुजाऱ्यांचो भोवमान करपाचो कार्यक्रम आयोजीत केल्ले खातीर भलायकी मंत्र्यांची तोखणाय केली आनी कोरोना संक्रमणाच्या काळांत कोवीड झुजाऱ्यांनी केल्ल्या सेवेची तुस्त केली. कोवीड झुजाऱ्यांची सेवा आनी सरकारान वेळार उपलब्ध केल्ल्या आवश्यक सुविधांक लागून आमी कोरोनाच्या पयल्या आनी दुसऱ्या ल्हाराक यशस्वीपणान तोंड दिवपाक शकले आनी आता तिसऱ्या संभाव्या ल्हाराकय तोंड दिवपाक आमची तयारी चालू आसा, अशें तांणी सांगले.

लोकांच्या कल्याणाखातीर मुख्यमंत्री आनी भलायकीमंत्री रातदीस काम करतात, अशें सांगून श्री. आजगांवकर हांणी कासारवर्णे  मुळाव्या भलायकी कैंद्राचे दोतोर आनी हेर भलायकी कर्मचाऱ्यांचे अभिनंदन केले.

भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी शेजारच्या राज्यांनी सापडिल्ल्या डेल्टा प्लस संसर्ग दुर्येंतींचो उल्लेख करून आमी खबरदारीचे उपाय घेवपाची गरज उक्तायली. कोवीड संक्रमणापासून सुरक्षीत रावपाखातीर लोकांनी एसओपी चे पालन करपाचो उलो मारलो. कोरोनाच्या पयल्या आनी दुसऱ्या ल्हाराक आमी यशस्वीपणान तोंड दिल्ले आसले तरी आमच्या अनेक दोतोरांक आनी नर्सीक कोरोनाची लागण जाली. तांणी कोरोनातल्या बरें जावन आपल्या सेवेक परतून सुरवात केल्ली आसा. भलायकी मंत्र्यान लोकांक बेगीनात बेगीन कोवीडाआड वासीन घेवपाचोय उलो ह्या वेळार मारलो.

श्री. संतोष शेटकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.

-

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/5--

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji